**Panaji regional 8 April 2026** 7.20 pm

मुखेल खबरो

- AI draft policy तयार करपाच्या फांटभुयेर म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी goa technology association, goa electronics limited, goa chamber of commerce and industry च्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेतली.
- प्रीतम हरमलकर आणि अंकिता कामत यांनी दाखल केल्या याचिकांक परवानगी दिल्या उपरांत गोय फांटो मुंबई उच्च न्यायालयान फोंडा विधानसभा पोट वेचणुकीची अधिसूचना रद्द केली
- गोंयच्या दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हांचे आगमन जाले . गोंय विधानसभा आणि सीपीए इंडिया रिजन, झोन-आठ आयोजित परिशदेत मुखेल सोयरे म्हण ते हाजीर रावतले.
- गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री (जीसीसीआय) आनी world peace university (डब्ल्यूपीयू गोंय )हांच्या जोडपालवान नामनेचो शास्त्रज्ञ आनी 'गोंयचो पूत' प्रा. रघुनाथ माशेलकार हांचो भौमान सुवाळो आयोजित केला. हो सुवाळो 16 एप्रिलाक

AI draft policy तयार करपाच्या फांटभुयेर म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी goa technology association, goa electronics limited, goa chamber of commerce and industry च्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेतली. ह्यावेळार AI मळावेल्या जाळवणदारांकडल्यान sattavn सुचोवण्यो आयल्यात. AI draft policy 100 दीसाभितर तयार करपाची सरकारान मोख दवरल्या अशी म्हायती ह्या पयली मंत्री रोहन खंवटे हांणी अर्थसंकल्पिय अधिवेशनावेळार दील्ली.

'AI फॉर गव्हर्नन्स अँड सोशल इम्पॅक्ट' कार्यशाळा, नागरिक सेवां खातीर ai चॅटबॉट सुरू करप आनी गोवा AI हॅकथॉन सुरू करप हांचेवीशी ह्यावेळार चर्चा जाली.तशेंच शिक्षण आनी कुशळटाय हांचेरय ह्या मिशनांत खर भर दिला. शाळा आनी म्हाविद्यालयांनी AIची वळख करून दिवप, AI लॅब स्थापन करप आनी शिक्षकांक प्रशिक्षण दिवपाची येवजण आसा. AI चड सुलभ करपाच्या यत्नांत कोंकणी LLM तयार करपा खातीर भाशिणी वांगडा भागीदारी करप हांचो आस्पाव जाता. ते भायर DITE&C खात्यां खातीर ai readiness इंडेक्स आशिल्ल्या ai कोश प्रकल्पाचेर काम करता आनी गोंयांत ai सेंटर ऑफ एक्सेलन्स स्थापन करपाची येवजण आसा अशी म्हायती ह्यावेळार मंत्री रोहन खंवटे हांणी दील्या.

प्रीतम हरमलकर आणि अंकिता कामत यांनी दाखल केल्या याचिकांक परवानगी दिल्या उपरांत गोय फांटो मुंबई उच्च न्यायालयान फोंडा विधानसभा पोट वेचणुकीची अधिसूचना रद्द केली. न्यायालयाच्या आदेशा उपरांत, णव एप्रिलाक जावपी मतदान रद्द केला. या याचिकांमदी वेचणुकीच्या अधिसूवणेक आव्हान दिल्ले आणि न्यायालयाच्या या निर्णयान सुरू आशिल्ली वेचणूक प्रक्रिया प्रभावीपणान थांबल्या. मुखावेल्या कार्यवाहीबाबत प्रशासनाकडच्यान निर्देशांची प्रतीक्षा आसा. Byte

विधानसभेचो पांच वर्सांचो कार्यकाळ सोंपपाक एक वर्सा परस उणो काळ आशिल्ल्याचें सांगून फोंडेंची पोटवेंचणूक रद्द करपाचो निवाडो गोयच्या मुंबय उच्च न्यायालयान दिला. वेंचणुकेंत भाजपा वतीन रितेश नायक, कॉंग्रेस पक्षा वतीन केतन भाटीकार जाल्यार आम आदमी पक्षा वतीन गीतेश नायक हे

उमेदवार वेंचणुक रिंगणात आशीलले . फाटल्या कितल्याशाच दिसां सावन पोटवेंचणुके खातीर प्रचार चालूच आशिल्लो. पोस्टल मतदानूय जाल्लें. घराघरांनी प्रचार, बसका आनी जाहीर सभा अशे तरेन उमेदवारांनी प्रचार चलयिल्लो. न्यायाधीश वाल्मिकी मीनेजीस आनी अमित जामसंडेकर हाणी हो निवाडो दिलो.

गोंयच्या दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हांचे आगमन जाले .शिश्टाचार मंत्री मावीन गुदीन्हो हांणी तांका येवकार दीलो.गोंय विधानसभेंत CPA इंडिया region झोन-आठव्या परिशदेत मुखेल सोयरे म्हण ते हाजीर रावतले. ही परिशद 9 -10 एप्रिल 2026 ह्या काळांत गोवा मॅरियट रिसॉर्ट, मीरामार हांगा आयोजित केल्या. गोंय विधानसभेच्या जोडपालवान आयोजित राष्ट्रकुल संसदीय संघ (सीपीए), भारत प्रदेश, झोन-आठवो (अस्तंत विभाग) परिशदेंत अस्तंत भारतांतल्या वरिश्ठ संसदीय फुडाऱ्यांक एकठांय हाडून मुखेल शासन आनी उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर चर्चा करपाची अपेक्षा आसा.

आंतर संसदीय सहकार घटमूट करप आनी प्रादेशिक आनी राष्ट्रीय प्रस्नांचेर अर्थपूर्ण संवाद सादप हो हे रिशदेचो हेत आसा. तशेंच शासनांतल्या समकालीन आव्हानां खातीर कायदेशीर उत्तम पद्दतींचो आनी सहकार्याच्या पद्दतींचो आदान-प्रदान करपाक एक मंच म्हणून काम करतले.

ह्या परिशदेंत 9 एप्रिल 2026 दिसा जावपी “2047 मेरेन विकसीत भारताचीं ध्येयां साध्य करपाक तरणाट्या आमदारांची भुमिका” आनी 10 एप्रिल 2026 दिसा जावपी “वेपार, पर्यटन, शारीकरण, पर्यावरण आनी दर्यादेगेवेल्या जोडणींत झोन-VII ची प्राधान्यताय” अशीं दोन विशयात्मकपूर्ण अधिवेशनां आसतलीं. उदरगतीच्या प्राधान्यांचेर रचनात्मक संवाद, कायदेशीर नवनिर्माण आनी सहभागी राज्यांमदीं प्रादेशिक सहकार्याक पोसवण दिवपाचेर चर्चा जातली.

गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री) आनी world peace university हांच्या जोडपालवान नामनेचे शास्त्रज्ञ आनी ‘गोंयचे पूत’ प्राध्यापक . रघुनाथ माशेलकार हांचो भौमान सुवाळो आयोजित केला. हो सुवाळो 16 एप्रिलाक पणजे कला अकादमीत मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांच्या हस्तुकी जातलो अशी म्हायती gcci ची अध्यक्षा प्रतिमा धोंड हांणी दील्या.पणजे gcci सभाघरात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत ती उलयताली .

ह्या वेळार goa 2037 , kowledge ,industry , and sustainablity conclvae जातली. जाल्यार conclaveच्या दरम्यान reimagining goas future,- balancing industry and ecology तशेंच goa as a global knowledge hub - briging academia and industry अशी चर्चासत्रा जातली अशी म्हायती wotld peace university चे कुलसचिव डा◌ॅविजयन करिपल हांणी दील्या.

गोंयची फिल्म निर्माती सैस्मा नायक हांणी तयार केल्लो एआय निर्मित लघुपट “टोटो – अ रेस्क्यूड लव” हाची 10 एप्रील 2026 दिसा ऑनलायन जावपी एआय झोन आंतरराष्ट्रीय एआय फिल्म महोत्सवा खातीर निवड जालया .हो महोत्सव फकत कृत्रिम बुद्धिमत्तेचो वापर करून तयार केल्ल्या चित्रपटांचेर लक्ष केंद्रीत करता आनी एआय चालीत सिनेमा खातीर जागतीक मंच म्हणून काम करता.

Saisma नायक fondaachi 21 वर्सां पिरायेची फिल्म निर्माती आनी तिणे पंजीच्या डॉन बॉस्को कॉलेजींतल्यान मास कम्युनिकेशन पदवी प्राप्त केल्या . “टोटो – अ रेस्क्यूड लव” हो चित्रपट टोटो नावाच्या एका भटक्या कुत्र्याची काणी सांगत, जाका कोणे रासत्यार सोडून दिललो आसता आणि आता तो रस्त्यार जगपाखतिर संघर्ष करता . जेनना एक बायल ताक वाचयता तेंना टाचे जीवित कक्षे बदलता हे तातूत darshylaa

प्रसार भारतीन दूरदर्शन केंद्र, पणजी हांगा नैमित्तिक पदां खातिर अर्ज मागयल्यात. इत्सुक उमेदवार ३० एप्रिल २०२६ मेरेन अर्ज करू शकतात.

संपादकीय सहाय्यक पदाखातीर वय २५ ते ५० विद्यापीठाची पदवी, पत्रकारितेत डिप्लोमा आणि तीन वर्सांचो पत्रकारितेचो अणभव. वृत्तवाचक पदाखातीर वय 25 ते 50,पदवी, कोकणी भाषेत निपुणता आणि कॅमेऱ्या मुखार सहज संवाद साधता येवपासारके व्यक्तिमत्व आसप गरजेचे. सीजी ऑपरेटर पदावातीर, २१ ते ५० वर्सा संगणक प्रमाणपत्रा सयत १२ वी उत्तीर्ण गरजेचे. वेबसाइट सहाय्यक पदाखातीर पदवीसयत पत्रकारिता वा जनसंवादात डिप्लोमा जाय. पात्र उमेदवारांनी आपलो बायो-डेटा, रंगीत फोटो आनी ' आणि साक्षांकित कागदपत्रा उपसंचालक (वृत्त), दूरदर्शन केंद्र, आल्टिन्हो, पणजी हांगा दिवची

खेळां आनी युवा वेव्हार संचालनालय पणजी हांणी कांपाल पणजी हांगा आयोजीत केल्ले 19 वर्सा skaylya चल्यांचे खो खो सर्तीत दिवचल म्हालांतल्या मुळगांवच्या ज्ञानप्रकाश उच्च माध्यमीक विद्यालयान आंतर उच्च माध्यमीक विद्यालय राज्य पांवड्या वयले खो-खो सर्तीत चल्यांच्या खो खो पंगडान उपवस्तादपण मेळयलें.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण, राज्यात चडान चड तापमान 33.4
अंश सेल्सियस आणि उण्यात उणे तापमान 22.5 अंश सेल्सियस इतले नोंद
जाला.

- AI draft policy तयार करपाच्या फांटभुयेर म्हायती आनी तंत्रगिन्यान मंत्री रोहन खंवटे हांणी goa technology association, goa electronics limited, goa chamber of commerce and industry च्या जाळवणदारांकडे खासा बसका घेतली.
- प्रीतम हरमलकर आणि अंकिता कामत यांनी दाखल केल्या याचिकांक परवानगी दिल्या उपरांत गोय फांटो मुंबई उच्च न्यायालयान फोंडा विधानसभा पोट वेचणुकीची अधिसूचना रद्द केली
- गोंयच्या दाबोळी आंतरराष्ट्रीय विमानतळार लोकसभा सभापती ओम बिर्ला हांचे आगमन जाले . गोंय विधानसभा आणि सीपीए इंडिया रिजन, झोन-आठ आयोजित परिशदेत मुखेल सोयरे म्हण ते हाजीर रावतले.
- गोवा चेंबर ऑफ कॉमर्स अँड इंडस्ट्री (जीसीसीआय) आनी world peace university (डब्ल्यूपीयू गोंय )हांच्या जोडपालवान नामनेचो शास्त्रज्ञ आनी ‘गोंयचो पूत’ प्रा. रघुनाथ माशेलकार हांचो भौमान सुवाळो आयोजित केला. हो सुवाळो 16 एप्रिलाक